**मुख्यमंत्र्याकडल्यान जिल्हा हॉस्पिटलाच्या ऑक्सिजन टांकयेची पळोवणी**

ता. 12 मे 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज दक्षीण गोंयातल्या जिल्हो हॉस्पिटल प्रकल्पाक भेट दिवन प्रकल्पातल्या ऑक्सिजन टांकयेची पळोवणी केली. काल टँकरातलो ऑक्सिजन टांकयेंत भरतना टँकरांतल्यान ऑक्सिजनाची गळटी जावपाची घडणूक घडिल्ली. मुख्यमंत्र्यांन संबंदीत अधिकाऱ्यांकडल्यान परिस्थितीचो नियाळ घेतलो.

तशेंच मुख्यमंत्र्यान दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी रूचीका कट्याळ, जिल्हो हॉस्पिटलाचे वैजकीय अधिक्षक डॉ. दिपा कुरैया आनी हेर संबंदीत अधिकाऱ्यांवांगडा बसका घेवन जिल्हो हॉस्पिटलातल्या कोवीड उपचार वेवस्थेचो नियाळ घेतलो.

मजगती, दिल्लीतल्यान आयिल्ल्या तंत्रिक पंगडान ऑक्सिजन टांकयेचे दुरूस्तीकाम सूरू केल्ले आसून आयच्यान टांकयेत ऑक्सिजन भरपाक सूरू करतले.

दक्षीण गोंयातल्या जिल्हो हॉस्पिटलांत सध्या 530 खाटींची तांक आसून दर दिसा सरासरी 100 दुयेंतीक डिसचार्ज दितात आनी तांच्या जाग्यार नव्यां दुयेंतीक भरती करतात. परिस्थिती हाताळपाक हॉस्पिटलांतल्या दोतोरांसयत खाजगी दोतोरय कंसल्टंट म्हुण बरी सेवा दितात. हॉस्पिटलांत कोवीड वेवस्थापन योग्य तरेन हाताळपात येता, अशी म्हायती मुख्यमंत्र्यान दिली.

लोकांनी कोवीडाची खंयचीय लक्षणां दिसली बरोबर चाचणी करून घेवची आनी दोतोराच्या सल्ल्या प्रमाण हॉस्पिटलांत भरती जावचे. अशें केल्ल्यान दुयेंतींचेर रोकड्या रोकडे उपचार जातले आनी दुयेंती मरपाचे प्रमाण नक्कीच कमी जातले. दुयेंतींनी कोरोनाचो संसर्ग फुफूसामेरेन पावसर रावचे न्हय. कोरोना संसर्गाचो फुफूसाचेर परिणाम जावन दुयेंतींक मरण येता, त्याखातीर दुयेंतींनी बेगीनात बेगीन हॉस्पिटलांनी भरती जावपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

तशेंच तांणी राज्यांतल्या फार्मसी आस्थापनांक आनी फार्मासिस्टांक दुयेंतीक योग्य उपचार मेळपाखातीर दुयेंतींक मुळाव्या भलायकी केंद्रांनी वचपाक सांगचे, अशी विनंती केली. राज्यांत दुयेंती मरपाचे प्रमाण कमी करपाखातीर लोकांचे सहकार्य म्हत्वाचे आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

म्हा /सप/ ऑप/ विगां/ 2021/476

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji